Akashwani Panaji 17th May 2026 National news 8.40 am

* राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सर्वोच्च न्यायालयाच्या (न्यायाधीशांची संख्या) दुरुस्ती अध्यादेश, 2026 जाहीर करून सर्वोच्च न्यायालयांतल्या न्यायाधीशांचो आकडो 33 वयल्यान 37 मेरेन वाडोवपाक मान्यताय दिल्या.

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज स्टॉकहोमचा स्विडनाचा दोन दिसांच्या भोवंडेर Gothenburgआत पावतले.

* शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी एकत्रीत शेतीच्या व्यापक प्रसार आनी विस्ताराचेर खाशेलो भर दिला

* केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळान (सीबीएसई) अंदू पयल्या जुलय सावन सुरू जावपी धाव्या वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर तीन भासांचो अभ्यास सक्तीचें केलां.

Pres

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सर्वोच्च न्यायालयाच्या (न्यायाधीशांची संख्या) दुरुस्ती अध्यादेश, 2026 जाहीर करून सर्वोच्च न्यायालयांतल्या न्यायाधीशांचो आकडो 33 वयल्यान 37 मेरेन वाडोवपाक मान्यताय दिल्या.कायदो आनी न्याय मंत्रालयान उजवाडायल्ल्या राजपत्र अधिसुचोवणे प्रमाण हया अध्यादेशांत सर्वोच्च न्यायालयांत दुरुस्ती केल्या Act, 1956. हे दुरुस्तीवांगडा भारताचे मुखेल न्यायाधीश सयत सर्वोच्च न्यायालयाचे वट्ट बळगें 38 न्यायाधीशांमेरेन वाडटले .

PM Modi

हेगांत जाल्ल्या सामुदायीक कार्यावळीन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी वाटो घेतलो. हाजीर आशिल्ल्या लोकांची उमेद पळोवन आपल्याक भारतांतल्या एका महोत्सवांत

वांटो घेता अशें दिसलें अशें म्हणीत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें... (byte)फुडें तांणी हेग हें भारत आनी नेदरलँड हांच्यामदी असलेल्या इश्टागतीचें प्रतीक म्हटलें.

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज स्टॉकहोमचा  स्विडनाचा  दोन दिसांच्या भोवंडेर Gothenburgआत पावतले. ते  आपल्या स्विडीश समकक्ष उल्फ क्रिस्टर्सना कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले आनी द्विपक्षीय संबंदांच्चो नियाळ घेतले आनी द्विपक्षीय वेपार वाडोवपा खातीर सहकार्याचे नवे मार्ग सोदून काडटले . पाचवी संक्रमण, एआय, तंत्रगिन्यान, स्टार्टअप, लवचीक  पुरवण  साखळी, संरक्षण, अंतरिक्ष, हवामान कृती आनी लोकां मदल्या संबंदांत सहकार्याचो सोद घेतले. तशेंच युरोपीय आयोगाची अध्यक्ष उर्सुला फॉन डर लेयेन हांचे वांगडा युरोपियन राउंड टेबल फॉर इंडस्ट्री ह्या मुखेल पॅन युरोपीय वेवसायीक फुडाऱ्यांच्या माचयेर  दोनूय प्रधानमंत्री उलोवप  करतले.  प्रधानमंत्रीच्या व्यापक युरोपीय भोंवडेचो हो  तिसरो पांवडो आसा.  हाचे आदीं प्रधानमंत्री मोदी हांणी काल नेदर्लंड्स भेटी वेळार समाजीक संवाद ते डच रॉयल फॅमिली कडेन बसका अशा साबार कार्यावळींनी वाटो घेतलो . हेगांत सामुदायीक कार्यावळीत उलोवप  करतना प्रधानमंत्र्यानी , संवसारांत कोवीड-19 महामारी, चालू आशिल्ले संघर्श आनी उर्जेचें संकश्ट  अशा अपूर्व आव्हानांक तोंड दिवचें पडटा अशे सांगलें . ह्या आव्हानांक बेगीन तोंड दिवंक ना  लोकसंख्येक त्रास जाऊ शकता  अशी शिटकावणी तांणी दिली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारताची जागतीक भुमिका रेखांकित करून  हि  एकुणिसाव्या शेंकड्यांतली  भूंय तंत्रगिन्यान आनी मनीस मुल्यां ह्या दोनूय गजालींनी चालना दिता अशें वर्णन केलें.

one election

वन नेशन वन वेंचणूक विधेयकाचेर संयुक्त संसदीय समितीन काल बेंगळुरूंत राजकी पक्ष, कायदेशीर  नागरी समाज हांचे कडेन व्हड प्रमाणांत सल्लो घेतलो. मिडियाक  म्हायती दितना समितीचे अध्यक्ष पी पी चौधरी हांणी वेगवेगळ्या राज्यांतल्या भेटी वेळार जेपीसी कडल्यान हरकती आनी शिफारशी एकठांय करतात अशी म्हायती दिली. ह्या प्रस्तावाक लागून निर्माण जाल्ल्या आव्हानां विशीं तांणी सांगलें. वेंचणुको समन्वयीत करपा खातीर कांय राज्य विधानसभा वेळा पयलींच विसर्जीत करचे पडटले आनी पलायन विरोधी कायदे, अविस्वास प्रस्ताव आनी राष्ट्रपती राजवटींतल्यान निर्माण जावपी प्रस्न सोडोवचे पडटले अशे सांगलें .

mp

मध्य प्रदेशांतल्या धार जिल्ह्यांतल्या भोजशाला संकुलांतल्या स्मारकांत हिंदूंक पुजे खातीर आनी हेर कामां खातीर अनिर्बंध प्रवेश मेळ्ळा. धारांतली भोजशाळा ही देवी सरस्वतीचें देवूळ अशें मध्य प्रदेश उच्च न्यायालयान थारायिल्ल्या एका दिस उपरांत एएसआयचो हो निर्णय आयला.

custom

मोलादीक धातूंचेर चड कस्टम शुल्क लायल्या उपरांत कांय दिसां भितर सरकारान रुप्याचेर आयात बंदी घाल्या.विदेश  वेपार महासंचालनालयान अधिसुचोवणेंत , भांगर आनी प्लॅटिनम  सयत रुप्या खातीर आयात धोरणांत तात्काळ परिणामा सयत  प्रतिबंधीत केलां अशे सांगला .

Indian Army

पाकिस्तानान आतंकवाद्यांक आलाशिरो दिवचो न्हय आनी भारता आड कारवाय करप बंद करचें अशें भारतीय लश्करी मुखेल जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांणी आयज सांगलें. नवी दिल्लींतल्या जाल्ले 'सेना संवाद' ह्या कार्यावळींत उलयतना द्विवेदी हाणी सांगलें.

पाकिस्तानान भारता आड अशो कारवायो चालू दवरल्यो जाल्यार पाकिस्तानाक भूगोलाचो वा इतिहासाचो भाग जावचो असा हें तांकां थारावचें पडटलें अशी शिटकावणी तांणी दिल्या.

turbine

राष्ट्रीय राजधानींतल्या विमानन टर्बाइन इंधनाचेर जावपी मोल वर्धित कर 25 टक्क्यांवयल्यान 7 टक्क्यांनी उणो करपाचो म्हत्वाचो निर्णय दिल्ली सरकारान घेतला. पर्यटन आनी रसद कार्यावळींक चालना दिवपाच्या हेतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी जोडणी आनी अर्थीक कार्यावळी घटमूट करपाचेर भर दिल्ल्या प्रमाण हो निर्णय घेतला अशें दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हांणी सांगलें.

Singh

शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी एकत्रीत शेतीच्या व्यापक प्रसार आनी विस्ताराचेर खाशेलो भर दिला आनी शेतकारांक वेव्हारीक रितीन आपणावपाक प्रोत्साहन दिवचें अशें सांगलां. नवी दिल्लींत भारतीय शेतकी संशोधन मंडळाच्या अर्थ समिती संबंदीत उच्च पांवड्यावेले बसकेचे अध्यक्षपद

ताणी केले. भारतीय शेती चड उत्पादक, उण्या खर्चाचो आनी फायद्याचो वेवसाय करपा खातीर सगळे यत्न कारचे पडतले अशे तांणी सांगले.हे बसकेंत मंत्रीमंडळान अधिकाऱ्यांक सुचोवणी दिवन  शेतकी हो देशांतल्या लोकसंख्येच्या व्हडल्या वर्गाक उदरनिर्वाहाचो  मुखेल स्त्रोत आसा आनी भारतीय अर्थवेवस्थेक घटमूट करता अशे सांगलें . शास्त्रीय शेती ही तासाची गरज म्हूण नोंद करून मंत्री सिंग हानी  , हवामानांतल्या बदलाचो परिणाम आतां भारतांतच न्हय तर संवसारभर स्पश्टपणान दिसून येता अशे सांगले . तशेंच दरेका राज्याच्या कृशी हवामानाच्या परिस्थिती प्रमाण राज्या प्रमाण शेतकी रस्तो नकाशे तयार करपाचे दिकेन राज्यांच्या संमतीन नेटान काम करपाक अधिकाऱ्यांक निर्देश दिले.

Cbse

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळान (सीबीएसई) अंदू पयल्या जुलय सावन सुरू जावपी धाव्या वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर तीन भासांचो अभ्यास सक्तीचें केलां. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 आनी शाळेच्या शिक्षणाची राष्ट्रीय अभ्यासक्रम चौकटी 2023 प्रमाण तीन भासांतलीं उण्यांत उणीं दोन भासो मूळ भारतीय भासो आसूंक जाय अशें मंडळान एका निवेदनांत सांगलां.धावे वर्गांत तिसरे भाशेची  मंडळ परिक्षा आसची ना अशें सीबीएसईन स्पश्ट केलां आनी ह्या  खातीर सगळ्यो मुल्यांकन पुरायपणान शाळेचेर आनी अंतर्गत आसतले अशें सांगलां. ह्या  विद्यार्थ्यांची कामगिरी सीबीएसई प्रमाणपत्रांत वेवस्थीत दिसतली अशें मंडळान सांगलें.

Jitendra

क्वांटम आनी आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स सार्वभौमत्व, देशी पर्यावरण यंत्रणे वांगडाच भारताची फुडले पिळगेचे वाडीची व्याख्या करतली अशें विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री dr जितेंद्र सिंगा हानी   सांगलें.तंत्रज्ञान उदरगत मंडळान नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीक मार्गदर्शन  करतना तांणी ,तंत्रज्ञान क्षेत्रांत भारताची फुडाराची

वाड देशाची विस्वासपात्र एकत्रीत पद्दत आपणावपाचे क्षमतेक आदारून आसतली अशे सांगले .क्वांटम तंत्रगिन्यान, अर्थीक आनी उद्देगीक फुडारपणा खाला संशोधन पर्यावरण प्रणालींतल्या समन्वयात्मक उपक्रमांतल्यान देश नवनिर्माण चालीक लायिल्ल्या वाडीच्या नव्या पांवड्या कडेन जुळता  अशें तांणी सांगलें. कार्यावळी वेळार संशोधन विकास नवनिर्माण  निधी येवजणे खाला पांच प्रकल्पां खातीर करार जाले, येवजणे खाला पयलें इलॅक्ट्रॉनीक निधी वितरण जाहीर केलें, आरडीआय येवजणेच्या स्थिती अहवालाचेर संक्षेप सुरू केलो आनी भारतांतल्या क्वांटम-सुरक्षीत पर्यावरण प्रणालीचेर अहवाल औपचारीकपणान जाहीर केलो. आरडीआय उपक्रमाचें म्हत्व उक्तायतना dr सिंग हाणी  , भारताची नवनिर्माण पर्यावरण प्रणाली घटमूट करपा खातीर आनी संशोधन आनी विकासांत खाजगी गुंतवणूक करपाक सक्षम करपी परिस्थिती निर्माण करपा खातीर सरकारान जायते उपक्रम आनी पद्दती आपणायल्यात अशे तांणी सांगला .

Telecommunication

संवसारीक दूरसंचार आनी म्हायती समाज दीस आयज संवसारीक पांवड्यार मनयतात. हो दीस आंतरराश्ट्रीय दूरसंचार संघ (ITU) - युनायटेड नेशन्स एजन्सी फॉर डिजिटल टेक्नॉलॉजीज 1865 वर्सा पॅरिसांत स्थापन जाल्ल्याचो उगडास करता. इंटरनॅट आनी हेर म्हायती आनी संचारण तंत्रगिन्यानाचो (आयसीटी) वापर समाजांक आनी अर्थवेवस्थेक कितली शक्यताय हाडूंक शकता, तशेंच सरकारांक, उद्देगांक आनी समाजांक संवसार चालू दवरपी डिजिटल लायफलाइन घटमूट करपाक ह्या दिसा उलो मारला. ह्या वर्साचो विशय म्हणल्यार - "डिजिटल लायफलायन: जोडिल्ल्या संवसारांत लवचीकपण घटमूट करप." असो आसा Kalovni

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी  ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर  कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज  करपाची निमणी

तारीख 1 जून २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

Imd

भारतीय हवामान खात्यानं आयज नैऋत्य पावसाळे अरबी दर्याच्या कांय वाठारांनी, बंगालच्या खाडींत, अंदमान दर्याच्या जायत्या वाठारांनी आनी निकोबार जुंव्यांचेर पावला अशें सांगलां. ह्या म्हयन्याच्या 26 तारखेक केरळांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. अंडमान आनी निकोबार जुंवे, हिमालयन, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे आनी दक्षिण कर्नाटक हांगा 3-4 दिसांनी एकसुरे सुवातेर पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. हवामान खात्यान फुडले दोन दीस बिहार, छत्तीसगढ, झारखंड, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, ओडिशा आनी रायलासीमा, आंध्र प्रदेश, कोंकण, गोंय, तेलंगणा, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडात वीज आनी वादळी वारें वांगडा गडगड येवपाचो अदमास उक्तायला . फाल्यां मध्य प्रदेश, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भात उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला .

badminton

बॅडमिंटनांत आयज बँकॉकांत जावपी थायलंड ओपनाचे दादल्यांच्या डबल्स फायनलींत सात्विकसैराज रँकिरेडी आनी चिराग शेट्टी हि भारतीय जोडी Leo Rolly Carnando आनी डॅनियल मार्थिन ह्या इंडोनेशियन जोडी आड खेळटले.

Mukhelkhabro

* राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सर्वोच्च न्यायालयाच्या (न्यायाधीशांची संख्या) दुरुस्ती अध्यादेश, 2026 जाहीर करून सर्वोच्च न्यायालयांतल्या न्यायाधीशांचो आकडो 33 वयल्यान 37 मेरेन वाडोवपाक मान्यताय दिल्या.

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज स्टॉकहोमचा स्विडनाचा दोन दिसांच्या भोवंडेर Gothenburgआत पावतले.

* शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी एकत्रीत शेतीच्या व्यापक प्रसार आनी विस्ताराचेर खाशेलो भर दिला

* केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळान (सीबीएसई) अंदूं पयल्या जुलय सावन सुरू जावपी धाव्या वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर तीन भासांचो अभ्यास सक्तीचें केलां.